SERENDIPITY
ARTS
FESTIVAL

**लुक, स्ट्रेंजर**

चित्रपट, फोटो आनी बहुमाध्यमांत निवेदनां सादर करपाक उलो

केंद्रबिंदूः दक्षिण आशिया

**विशया संबद्दानः**

जर्मनीतल्या अभुतपूर्व चित्रपट आनी फोटो प्रदर्शनाचो 90वो वर्सुकी दीस आनी बावहाऊस स्कुलाची 100 वर्सां अधोरेखीत करपी ही मुळ संकल्पना इंग्लीश कवी डब्ल्यु. एच. ऑडन हांच्या "लुक, स्ट्रेंजर" हाचे प्रेरणेतल्यान थारायल्या.

वेगवेगळ्या वयाचे तशेंच फांटभुयेच्या उमेदवारां कडल्यान प्रस्ताव मागयल्यात कारण हे प्रदर्शन म्हायतीपट आनी हेर प्रयोगशील माध्यमांतल्यान एका व्यक्तिचें ताच्या समाजाकडलें नातें सोदपाची आनी हेर अनवळखी मनश्यां कडल्या ताच्या नात्यांचेर प्रस्न उबारपाची एक विविधांगी संद. दक्षीण आशियाई कलाकार वा ह्या वाठारांत वा ह्या वाठाराविशीं जावपी कामाक एक थारावीक उलो दिवन, निवेदन दिवपी उमेदवारांक एका जाग्याविशीं, लोकांविशीं, स्वताच्या कुटूंबाविशीं वा एका घडणुकेविशीं आशिल्ली ओढ आनी ते ओढी विशीं जागृताय करपाक तशेंच स्वताची अलिप्तताय वा संलग्नतायेविशींचे जाणविकायेंक संबोधपाक प्रोत्साहीत करतात.

ऑडनाचे शिर्शक प्रेरणा म्हणून घेवन, दुसऱ्यां विशींचो आपलो दृश्टीकोण, तातूंतल्यान जगाविशीं आपली जागृताय विस्तारूंक कसो आदार जाता आनी नव्या, अपरंपरागत आनी अपेक्षीत तरांनी संवाद सादपाक वेगवेगळ्यो उस्फुर्त तरा आमकां कश्यो प्रेरीत करतात हे विशीं विवीध आयाम ह्या प्रकल्पांतल्यान मागयल्यात.

वेंचून काडल्यार हो प्रकल्प डिसेंबर 2019त गोंयात जावपी सॅरेंडिपीटी आर्टस फेस्टिवलांत आस्पावतले.

निवेदनाची निमणी तारीखः 31 मे

**Luk, sttrenzor**
chitropott, fotto ani bohumadhyomant nivedonam sador korpak ulo
kendrobindu: dokxinn axia

**vixea sombd'danH:**
zormonitlea obhutopurv chitropott ani fotto prodrxonacho 90vo vorsuki dis ani bauhaus skulachi 100 vorsam odhorekhit korpi hi mull sonklpona inglix kovi ddoblyu. Ech. Eddon hanchea "luk, sttrenzor" hache prernnetlean tharailea.

Vegvegllea voyache toxench fanttbhuyechea umedovaram koddlean prostavo magoileat karonn he prodrxon mhaitipott ani her proyogoxil madhyomantlean eka vyoktichem tachea somazakoddolem natem sodpachi ani her onoullokhi monxeam koddlea tachea nateancher prosn ubaropachi ek vividhangi sond. Dokxinn axiai kolakar va hea vattharant va hea vattharavixim zaupi kamak ek tharavik ulo divn, nivedon divpi umedovarank eka zageavixim, lokamvixim, svotachea kuttumbavixim va eka ghoddnnukevixim axil'li oddh ani te oddhi vixim zagritai korpak toxench svotachi oliptotai va somlgnotayevixinche zannvikayenk sombodhopak protsahit kortat.

Eddonache xirxok prernna mhonnun gheun, dusream vixincho aplo drixttikonn, tatuntlean zogavixim apli zagritai vistarunk koso adar zata ani novea, opromporagot ani opekxit toramni somvad sadpak vegveglleo usfurt tora amkam koxeo prerit kortat he vixim vividh ayam' hea proklpantolean magoileat.

Venchun kaddlear ho proklp ddisembor 2019t gõyat zaupi serenddipitti arttos festtivolant aspautole.

Nivedonachi nimnni tarikhH **31 me**